# राज्यपालांची सत्तरीतल्या सुर्ला गावांक भेट

ता. 1 जानेवारी 2022

गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी काल सत्तरी म्हालातल्या सुर्ला गावांक भेट दिली. सुर्ला गांवच्या ह्या भेटीन राज्यपालांच्या "पुर्ण गोवा दर्शन" कार्यक्रमाची सुरूवात जाली. आमदार श्री. प्रतापसिंह राणे आनी ग्रामपंचायत मंडळाचे वांगडी ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले. "पुर्ण गोवा दर्शन" कार्यक्रमाचो एक वाटो म्हूण राज्यपालांची सुर्ला गावांक ही पयली भेट आसा.

आमदार श्री. प्रतापसिंह राणे आनी गांवच्या मुखेल्यांनी राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई आनी तांची घरकान्न श्रीमती रिता श्रीधरन हांकां येवकार दिलो. राज्यपालान पर्येचे आमदार आनी सुर्ला गांवच्या ग्रामस्थांकडेन संवाद सादलो. ग्रामस्थांनी राज्यपालामुखार गांवाविशीं अनेक प्रस्न मांडले. राज्यपालान ग्रामस्थांचे प्रस्न संबंदीत यंत्रणांकडेन पावोवपाचे उतर दिले.

गोंयच्या इतिहासात पयलेच फावट राज्यपालान सुर्ला गावांक भेट दिवन ग्रामस्थांकडेन संवाद सादलो. राज्यपालान "पुर्ण गोवा दर्शन" कार्यक्रमाखाला सुर्ला गावांक पयली भेट दिवन गांवचो मान वाडयिल्ल्याचे आमदार श्री. प्रतापसिंह राणे हांणी म्हणलें.

"पुर्ण गोवा दर्शन" कार्यक्रमाखाला वर्सभरांत गोंय राज्यांतल्या प्रत्येक गावांक आपूण भेट दितलो अशें सांगून राज्यपालान अशां भेटीतल्यान गांवच्या लोकांकडेन संवाद सादपाची संद मेळटा, अशें म्हणलें. तशेंच तांणी ग्राम स्वराज्य संकल्पनेविशीं आपली कटीबद्दता व्यक्त केली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/01

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji